# काल राजभवनार रक्तदान शिबीर जालें

ता. 19 डिसेंबर 2025

गोंय मुक्ती दिसाच्या पूर्वसंध्येक काल राजभवनार रक्तदान शिबीर जाले. गोंय वैजकीय महाविद्यालय, गोंय विद्यापीठ आनी इंडियन रेडक्रॉस सोसायटी हांच्या जोड पालवान हे शिबीर आयोजीत केल्ले. राज्यपाल श्री पुष्पती अशोक गजपती राजू हांच्या उपस्थितीत रक्तदान शिबीराचे उक्तावण जाले.
राज्यपालान रक्तदात्यां कडेन संवाद साधताना समाजा खातीर केल्ल्या निस्सुवार्थ सेवे खातीर तांचे अभिनंदन केले. शिबीरांत वट्ट 82 युनिट रगत एकठाय केले.

गरजू दुयेंतींक वेळार रगत उपलब्ध जावचे ह्या खातीर अशा तरेन नेमान रक्तदान शिबिरांचे आयोजन करप म्हत्वाचे आशिल्ल्याचें राज्यपालान सांगलें आनी आयोजकांची तोखणाय केली.

म्हा /सप/ / विगां/ 2025/972

--

---------------------------------------------------------------------------------------------

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,

Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.